# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक प्रजासत्ताक दिसाची परबीं</u>

ता. 25 जानेवारी 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक 76 व्या भारतीय प्रजासत्ताक दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या आनी देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर बलिदान दिल्ल्या म्हान फुडाऱ्यांक आर्गां ओपल्यात.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, प्रजासत्ताक दीस देशांत सगळीं कडेन व्हडा देशभक्तिच्या भावनेन मनयतात. 26 जानेवारी 1950 दिसा संविधान सभाघरान भारतीय संविधानाचो स्विकार केलो. संवसारांतल्या व्हड लोकशाय देशाचे नागरिक म्हूण आमी आमच्या आदर्श संविधानाचो सदाच आदर करतात. संविधान हो आमचो अभिमान आनी संविधान आमकां राष्ट्र उभारणीच्या आमच्या प्रत्नांक मार्गदर्शन करता देखून संविधानाप्रती आमची समर्पित भावना आसप म्हत्वाचे.

ह्या इतिहासीक दिसा आमी फाटी वळून पळयतना आनी आमी कितली मेरेन वाटचाल केल्या हाचो नियाळ करतना आमकां आमच्या संविधानाचे म्हत्व कळटा. प्रजासत्ताक दीस हो देशाच्या वाटचालीतलो इतिहासीक खीण आनी लोकांनी तो अभिमानान मनोवपाक जाय आनी घटनेच्या शिल्पकारांचो उगडास करपाक जाय, जांणी आमच्या देशाक उदरगतीच्या उचेल्या तेंगशेंर पावयलो.

राज्य सरकारान साधनसुविधां, भलायकी, शिक्षण आनी प्रत्येक नागरिकाच्या जीणेत सुदारणा हाडपा खातीर साबार येवजणो चालीक लायल्यात. आमी राज्याचो विकास करतना सैम आनी संस्कृतीचोय सांबाळ करपाक जाय. आमच्या सोबित राज्याच्या उदरगती खातीर आमी सगळ्यांनी एकवटान योगदान दिवपाक वावर करूया.

ह्या इतिहासीक दिसा आमी आमच्या देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आनी लोकशाय मजबूत करपा खातीर त्याग केल्ल्या म्हान देशभक्तांच्या उगडासाक आर्गां ओपूया. ह्या म्हत्वाच्या दिसा आमी आमच्या संविधानातल्या आदर्शांप्रतीची आमची कटीबद्दता आनीक मजबूत करूया. आमच्या देशाचे सार्वभौमत्व, धर्मनिरपेक्षताय आनी लोकशाय तत्वां सांबाळून विकसीत आनी भरभराटीचे राष्ट्र करपाक कटीबद्द जावया.

प्रजासत्ताक दिसाच्या आयच्या प्रसंगार हांव परत एकदा समस्त गोंयकारांक परबीं भेटयता, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/93

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.